Panaji

15 Jul 2026 National News 6.30PM

## Murmu on Ayurveda

आयज नवी दिल्लींत जाल्ल्या ‘सौश्रुतम् 2026’ च्या उक्तावण सुवाळयाक राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाजीर आशिल्ल्यो. ह्या वेळार तरणाट्यांक संबोधीत करतना राष्ट्रपती मुर्मू हांणी सांगलें...(byte)

समाजाच्या बऱ्या खातीर आयुर्वेदांत आधुनीक तंत्र आपणावचो असो उलो राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी मारला, हे वांगडाच आयुर्वेदाचे शिक्षण घेवपी बायलां भुरग्यांक तांणी सांगलें...(byte)

## PM On CETA

‘व्यापक अर्थीक आनी वेपार करार’ (CETA) आनी ‘समाजीक सुरक्षा करार’ हांची अंमलबजावणी भारत-युनायटेड किंगडम हांच्या भागीदारींत मार्गदर्शक थारता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज सांगलें. केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांची सोशल मिडिया पोस्ट शेअर करतना प्रधानमंत्र्यान ही गजाल केली. CETA भारतांतल्या शेतकारांक, उद्देजकांक, आनी सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देगांक नवी उर्बा दितलें, तेच बरोबर वेगवेगळ्या प्रगतीशील क्षेत्रांक ब्रिटनाच्या बाजारांत प्रवेश दितलें अशेंय प्रधानमंत्र्यांनी म्हटलां.

## Semiconductor

भारताची सेमीकंडक्टर डिझाइन आनी उत्पादन पर्यावरण प्रणाली घटमूट करपा खातीर केंद्रीय मंत्रीमंडळान 1.27 लाख कोटी खर्च करून ‘सेमीकॉन 2.0’ क मान्यताय दिल्या. चिप डिझायन, सेमीकंडक्टर यंत्रणा आनी सामग्री, नवे फॅब्रिकेशन युनिट, संशोधन आनी विकास, कुशळटाय विकास हांचेर ह्या कार्यावळींत भर दिलो. देशी उत्पादनाक चालना दिवप, पुरवण साखळी चड लवचीक आनी सक्षम करप, राश्ट्रीय सुरक्षा घटमूट करप, सेमीकंडक्टर क्षेत्रांत भारताक जागतीक केंद्र म्हूण स्थापन करप ही ह्या कार्यावळीची उद्दिश्ट आशिल्ली.

## Mobile Scheme

केंद्रीय मंत्रीमंडळान 2026-27 ते 2030-31 ह्या काळांखातीर 62,500 कोटी खर्च करून 'मोबायल फोन उत्पादन येवजणेक' मान्यताय दिल्या. ही येवजण देशी उत्पादन, मोल वाडोवप, निर्यात, घटकांची उपलब्धताय, आनी भारतीय ब्रँडांक चालना दिवप अशें काय फायदे दिता. पांच वर्सांत 39 लाख कोटी वट्ट उत्पादन मोल मेळोवपाचो आनी 60,000 थेट नोकऱ्यो निर्माण करपाचो हे येवजणेचो हेत आसा.

## Nuclear Power Reactor

सद्या भारतांत सात सुवातींनी 24 न्यूक्लियर पवार रिऐक्टर्स चलयता आनी तांची क्षमता 8.78 गीगावॅट आसा. तेभायर 8,000 मेगावॅट क्षमताय आशिल्ले आनीक 10 रिऐक्टर्स बांदपाचे काम सुरू आसा. ह्या प्रकल्पांत प्रेशराइज्ड हेवी वॉटर रि**ॲ**क्टर्स (पीएचडब्ल्यूआर), बॉइलिंग वॉटर रि**ॲ**क्टर्स (बीडब्ल्यूआर), आनी लाइट वॉटर रि**ॲ**क्टर्स (एलडब्ल्यूआर) हांचो आस्पाव जाता. उर्जा सुरक्षा घटमूट करपा खातीर आनी अर्थीक वाड करपाखातीर भारत अणुऊर्जा कार्यावळीचो विस्तार करता अशें सरकारान सांगलां.

## Om Birla on Youth Skill day

'संवसारीक तरणाटे कुशळटाय दिसा' निमतान उलयतना लोकसभेचे अध्यक्ष ओम बिर्ला हांणी भारताची सगळयांत व्हडली ताकद 'युवा शक्ती' असल्याचें सांगलें. तरणाट्यांची उर्जा, कुशळटाय आनी नवो दृष्टिकोन ही 'विकसीत भारता'चें सपन साकार करपाक सगळयांत घट बुन्याद तयार करता अशें तांणी नदरेक हाडलें. ह्या संदर्भार तांणी भारताच्या कुशळ तरणाट्यांक परबी दिली आनी आत्मनिर्भर जावपाखातीर कुशळटाय आनी तंत्रगिन्यान गरजेचें आसा हाचेर भर दिलो.

## Weather

भारतीय  हवामान खात्यान आयज ओडिशात व्हड पावस पडपाची शिटकावणी जारी केल्या. ते भायर आयज बिहाराक, आनी फाल्यां मेरेन ईशान्य भारत, छत्तीसगड, झारखंड, आनी अस्तंत बंगालांत व्हड पावस पडपाचो अदमास खात्यान काडला. आयज अंदमान आनी निकोबार जुंवे, अस्तंत बंगाल, जम्मू आनी काश्मीर, लद्दाख, आंध्र प्रदेश, कर्नाटक, केरळ, माहे, तेलंगणा ह्या वाठारांनी वीज आनी वादळी वाऱ्यावांगडा गडगड येवपाची शक्यताय आसा. फुडल्या दोन दिसांत कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, मराठवाडा आनी उत्तराखंडांत अशीच परिस्थिती आसूंक शकता अशें हवामानखात्यान कळीत केलां.

## Sports

फुटबॉल विश्वचषकाच्या दुसऱ्या उपांत्य फेरयेंत आयज रातीं अमेरिकेंतल्या अटलांटा शारांत आर्जेन्टिनाचो पंगड इंग्लंडा आड खेळटलो. भारतीय वेळाप्रमाणं हो खेळ राती 12:30 वरांचेर सुरू जावपाचो आसा.